1 February 2025 सकाळी - 8.40

<u>मुखेल खबरो -</u>

- अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण आयज लोकसभेंत, 2025-26 वर्साचो अर्थसंकल्प, सादर करतल्यो.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज, भारत मंडपमात, नवी दिल्ली संवसारीक पुस्तक मेळाव्याचे, उक्तावण करतल्यो.
- देशात, आनीक चार नव्या राम-सर थळांची घोशणा.
- हॉकी इंडिया लीगांत, जेएसडब्ल्यू सूरमा हॉकी क्लबाक हारोवन, हैदराबाद तुफान्सान, फायनलींत पावल घाले.
- चौथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत, भारतान इंग्लंडाक, 15 धांवड्यांनी हारोवन, पांच मॅचींच्या ह्या माळेत, 3 आड 1 अशी आघाडी घेतल्या.

<u>पुराय खबरो -</u>

अर्थसंकल्प-

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण आयज लोकसभेंत 2025-26 केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर करतली. नरेंद्र मोदी सरकाराचें तिसऱ्या कार्यकाळांतलो हो दुसरो अर्थसंकल्प आसतलो. 2019 वर्सा सत्तेर आयले उपरांत अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांचें हे सेगीत आठवें अर्थसंकल्प सादरीकरण आसतलें.

अर्थसंकल्प सादर करचे पयलीं काल संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी अर्थीक सर्वेक्षण मांडून अर्थवेवस्थेच्या कामगिरीचो एक नियाळ दिलो.

पुस्तक मेळावो -

संवसारीक पुस्तक मेळावो 2025 आयज नवी दिल्लीच्या भारत मंडपम हांगा सुरू जातलो. अंदूं भारत प्रजासत्ताकाच्या 75 वर्सांचो उगडास करून 'आमी भारताचे लोक' हो ह्या मेळाव्याचो विशय आसा.

णव दिसांच्या ह्या मेळाव्याचें उक्तावण राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू करतल्यो. आकाशवाणी खबराकडेन उलयतना नॅशनल बुक ट्रस्टाचे संचालक युवराज मलिक हांणी ह्या वर्सा रशिया हो ह्या मेळाव्याचो केंद्रबिंदू देश आसा आनी फ्रांस, आर्जेन्टिना, स्पेन, कोलंबिया, अबू धाबी, आनी कतार हातुंत वाटेकार जातले अशे सांगले. सुमार दोन हजार प्रकाशक आनी एक हजार वक्ते ह्या पुस्तक मेळाव्याक हाजीर रावपाचे आसात अशें तांणी सांगलें.

रामसर -

केंद्र सरकारांन भारतांत, चार नवे रामसर स्थळ जोडपाची घोशणा केल्या आनी ही संख्या आता एकूण 89 जाल्या. सोशल मिडियाचेर पर्यावरण, राना आनी हवामान बदल मंत्रालयान सांगलां, की संवसारीक Wetlands दिसा आदीं, सरकारान सक्करा-कोट्टाई बर्ड अभयारण्य, तमिळनाडूंतलो थेरथंगल अभयारण्य, सिक्किमांतलो खेचे-ओपळरी Wetland वाठार आनी झारखंडांतलें उधवा तळें, हांचो देशांतल्या रामसर स्थळांच्या वळेरेंत आस्पाव केला.

MAHAKUMBH -

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर आयज प्रयागराजातल्या महाकुंभांत वाटो घेतले. त्रिवेणी संगमांत ते पवित्र स्नान करतले. भव्य आनी दैवी महाकुंभ संवसारीक लक्ष वेधून घेता अशें आमच्या खबराकारान कळयलां. वेगवेगळ्या देशांतल्या राजनयिक मोहिमेंचे मुखेली आयज महाकुंभाक भेट दितले.

महा कुंभ 2025आन लाखांनी लोकांक आकर्शीत करून भारताचोच सगळ्यांत व्हडलो आध्यात्मिक मेळावो न्हय तर जागतीक सांस्कृतीक कार्यावळ म्हणून आपली सुवात तयार केल्या. पयलेच खेपे 73 देशांतले राजनयिक आयज प्रयागराजांत येतले आनी गंगा, यमुना, आनी सरस्वती न्हंयांच्या संगमांत पवित्र स्नान करतले. ते अक्षयवत आनी बडे हनुमान देवळाकय भेट दितले. हाचे पयलीं धा देशांतल्यान 21 वांगड्याच्या शिश्टमंडळान महाकुंभाक भेट दिवन त्रिवेणी संगमांत पवित्र स्नान केला.

**PREZ-UDYANOTSAV -**

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज राष्ट्रपती भवनाच्या वर्सुकी उद्यनोत्सवाचें उक्तावण करतल्यो. फाल्यां सावन अमृत उद्यान भौसाक पळोवपा खातीर उक्ते जातलें. सोमार सोडल्यार सप्तकांतले स दीस सकाळीं 10 ते सांजे 6 मजगतीं लोकांक उद्यनाक भेट दिवंक मेळटा. सगळ्या भोंवडेकारांक प्रवेश आनी भायर सरप राष्ट्रपती इस्टेटाच्या गेट क्रमांक 35 वयल्यान आसतलो, हो प्रवेश North ॲव्हेन्यू राष्ट्रपती भवनाक मेळटा थंय लागींच आसा. भोंवडेकारांच्या सोयी खातीर केंद्रीय सचिवालय मेट्रो स्टेशन ते गेट क्रमांक 35 मेरेन दर 30 मिनटांनी सकाळीं 9.30 ते सांजे 6.00 मेरेन शटल बस सेवा उपलब्ध आसतली. बुकींग आनी गार्डनांत प्रवेश फुकट आसा. visit.rashtrapatibhavan.gov.in ह्या पोर्टलाचेर बुकींग करूं येता आनी थेट प्रवेश लेगीत मेळटा. फाल्यां सावन 30 मार्च मेरेन अमृत उद्यान

लोकां खातीर उक्ते आसतलें. उद्यनोत्सवाचो एक भाग म्हूण राष्ट्रपती भवनांत विविधता का अमृत महोत्सवूय जातलो.

श्रीलंक राजपत्र -

श्रीलंकेन राजपत्र जारी करून, गाडयो आयात करपाचेर आशिल्ले निर्बंध, शिथील करपाविशी म्हायती दिल्या. खर अर्थीक संकश्टा उपरांत देश ल्हवू ल्हवू सामान्य जावपाक लागला अशें ही घोशणा दाखयता. आयज सावन वैयक्तीक वाहनां खातीर कस्टम आयात कराचेर 50 टक्के अधिभार लागू केला. श्रीलंकेन हाचे पयलीं 2021 वर्सा पयशे छापप आनी आयएमएफच्या आदारान गणनेक बांदिल्ल्या अर्थीक हुस्क्याक लागून 3 हजारांवयर वस्तूंची आयात करपाचेर बंदी घाल्ली.

**MAGHI GANESH FESTIVAL -**

माघी गणेश उत्सव आयज सुरू जावन 11 फेब्रुवारी मेरेन चालू उरतलो. माघी गणेश जयंती वा माघ विनायक चतुर्थी हो श्री गणेशाच्या जल्माचो उत्सव. माघ म्हयन्यांतल्या शुक्ल पक्षाचे चतुर्थी तिथीक दर वर्सा हो दीस मनयतात. ह्या निमतान भक्त वेगवेगळ्या देवळांक भेट दिवपाक लागल्यात. मुंबय शारांतलें नामनेचें सिद्धिविनायक देवळा सयत वेगवेगळ्या देवळांनी खाशेली आरती करतात. महोत्सवा पयलीं प्लास्टर ऑफ पॅरिस (पीओपी) मूर्ती तयार करपाचेर आनी बुडोवपाचेर बंदी घालपी अंतरीम आदेश मुंबय उच्च न्यायालयान संमत केला. केंद्रीय प्रदुशण नियंत्रण मंडळान अश्यो मूर्ती तयार करपा खातीर पीओपी वापरपाचेर बंदी घाल्या, पीओपी मूर्ती बुडोवन उदकाच्या कुंडांत प्रदुशण जाता असो उल्लेख केला. पीओपी मूर्ती वापरपाक बंदी घालपा खातीर सीपीसीबीन जारी केल्ली मार्गदर्शक तत्वां चालीक लावपाचे निर्देश मुखेल न्यायाधीश आलोक आराधे आनी न्यायमूर्ती भारती डांगरे हांच्या खंडपिठान महाराष्ट्रांतल्या थळाव्या अधिकाऱ्यांक दिल्यात.

रिझर्व्ह बँक -

भारताच्या परकी चलनाच्या साठ्यांत, 24 जानेवारीक सोंपपी सप्तकांत, 5.57 अब्ज डॉलर वाडून, 629.55 अब्ज डॉलर जाल्या, अशें भारतीय रिझर्व्ह बँकेन जाहीर केल्ल्या, निमाण्या आंकड्यां प्रमाण दिसून आयलां. ह्या उदरगतीक मुखेलपणान साठ्यांचो मुखेल घटक आशिल्ल्या परकी चलन मालमत्तेंत, (एफसीए) म्हत्वाचो फायदो जाला. एफसीए ह्या सप्तकांत, 4.75 अब्ज डॉलर वाडून, 537.89 अब्ज डॉलर परस चड जालो.

आशियाई शिंयाळ्या खेळ -

चीनांतल्या हार्बिन शारांत, 7 ते 14 फेब्रुवारी मेरेन जावपी धाव्या आशियाई शिंयाळी खेळ 2025सात, भारतीय पंगडाक वांटो घेवपाक, सरकारान मान्यताय दिल्या. 59 खेळगडे आनी 29 पंगड अधिकारी आशिल्ल्या, 88 वांगड्याच्या भारतीय पंगडाक वांटो घेवपा खातीर मंजुरी दिल्या, अशें युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान निवेदनांत सांगलां. आशियाई शिंयाळी खेळांत, देशाक वांटो घेवपा खातीर सरकारान, औपचारीकपणान अर्थीक आदार दिवपाची ही पयलीच वेळ आसा.

हॉकी -

हॉकी इंडिया लीगांत, काल सांजे रौरकेला हांगाच्या, बिरसा मुंडा हॉकी स्टेडियमांत जेएसडब्ल्यू सूरमा हॉकी क्लबाक हारोवन, हैदराबाद तुफान्स, फायनलींत पावले. ह्या खिताबा खातीर आयज, हैदराबाद टूफन्स पंगड, श्राची

राह बंगाल टायगर्स, आड खेळटलो. मजगतीं, आयज तिसऱ्या क्रमांकाच्या मॅचींत, जेएसडब्ल्यू सूरमा हॉकी क्लब आनी तमिळनाडू ड्रॅगन्स हांचे आड जातलो.

क्रिकेटांत

दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं पुण्यांतल्या महाराष्ट्र क्रिकेट असोसिएशन स्टेडियमांत जाल्ल्या चवथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान इंग्लंडाक 15 धांवड्यांनी हारयले आनी पांच मॅचींच्या मालिकेंत 3-1 अशी आघाडी घेतली.

जैत मेळोवपा खातीर 182 धांवड्यांची मोख गाठपाक खेळपी इंग्लंडान दोन बॉल उरिल्ले आसतना 166 धांवड्यो मारल्यो. हॅरी ब्रुकाच्या क्विकफायर फिफ्टीन बरो खेळ दाखयलो पूण जैत मेळोवपाक तें पुरो जालें ना. भारता खातीर रवि बिश्नोई आनी हर्षित राणा हांणी दरेकीं तीन गडे वगडायले जाल्यार वरुण चक्रवर्तीन एकाच शटकांत दोन गडे वगडायले.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण आयज लोकसभेंत, 2025-26 वर्साचो अर्थसंकल्प, सादर करतल्यो.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज, भारत मंडपमात, नवी दिल्ली संवसारीक पुस्तक मेळाव्याचे, उक्तावण करतल्यो.
- देशात, आनीक चार नव्या राम-सर थळांची घोशणा.

- हॉकी इंडिया लीगांत, जेएसडब्ल्यू सूरमा हॉकी क्लबाक हारोवन, हैदराबाद तुफान्सान, फायनलींत पावल घाले.
- चौथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत, भारतान इंग्लंडाक, 15 धांवड्यांनी हारोवन, पांच मॅचींच्या ह्या माळेत, 3 आड 1 अशी आघाडी घेतल्या.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार